# Akashvani Panaji Regional news, 7.25 am 21st September 2025

सुशांत

भौशीक दर्यादेग नितळसाण दिस 2025 चो भाग म्हणून केळशी दर्यादेगेर मेगा बीच नितळसान मोहीम घडोवन हाडली. केळशी ग्राम पंचायत, पर्यावरण मंत्रालय आनी केळशी जैव विविधताय फावंडेशन हांणी जोड पालवान ही कार्यावळ घडोवन हाडली. २० सप्टेंबर हो दिस दर्यादेग नितळसाण दिस म्हूण पाळतात. त्याच निमतान काल ही नितळसाण कार्यावळ जाली. ह्या काऱ्यक्रमांत पेले ह्या नांवान लोकप्रिय आशिल्ल्या फ्रांसिस्को फर्नांडीस हांचो पर्यावरण संरक्षण आनी समाजीक कामां खातीर केल्ल्या सतत यत्नांक लागून भोवमान केलो. हे वेळार पेले हाणी आपले मनोगत उक्ताय्ले

------------------------------------------

Ganesh – CM Bihar

बिहारात युवा शक्ती, नारी शक्ती, किसान कल्याण आनी गरीब कल्याण ह्या बळग्याचेर बिहाराच्या दरेका कोनशांत सेवा दिवपाक आमी कटिबद्ध आसात अशें मुखेलमंत्री डॉ. सावंत हांणी सांगलें. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी आयज बिहारात एके सभेक संभोदीत केले. ह्या सभेक केंद्रीय मंत्री गिरिराज सिंग, बिहारचे मंत्री नितीन नबीन, खासदार डॉ. संजय जयस्वाल हांणी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्लें.मुखेलमंत्री डॉ. सावंत हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी मुखेलमंत्री नीतीश कुमार हांच्या फुडारपणा खाला विकसीत भारत, विकसीत बिहाराचो संकल्प मांडलो. उपरांत माध्यमां कडेन तांणी संवाद सादलो. डबल इंजिन सरकाराक लागून बिहाराची उदरगत जाल्या अशे मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाणी सांगलें

------------------------------------------

Rashmi – KARNATAK ELEPHANTS

गोंय सरकारान कर्नाटक राज्यान तांच्या वाठारात येवपी रानात ओंकार हत्तीचे पुनर्वसन करपाची मागणी केल्या अशी म्हायती शुक्रारा रान मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिली. महाराष्ट्रांतल्यान गोंयांत भटकून गेल्लो ओंकार

गोंय-महाराष्ट्र शिमेचेर पिकां नश्ट करून गांवांतल्या लोकां मदीं भंय निर्माण करता .फुडल्या 14 दिसां भितर हे प्रकरणाचेर कारवाय जातलीअशी म्हायती मंत्री, राणे हांणी दिली. मनीस-हत्ती संघर्शाच्या वाडट्या आव्हानाक तोंड दिवपा खातीर सहकार्याच्या पद्दतीचेर विचार करपा खातीर कर्नाटकाचो रानमंत्री ईश्वर खंडरे हांचे वांगडा दोनूय राज्यांचे वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्ले संयुक्त बसका घेतली अशें तांणी सांगलें.

-------------------------------------------

GST

कर रचना सुलभ करपाक आणि नागरिका/वेलो आर्थिक भार कमी करपाक एक इतिहासिक पाऊल म्हूण, next gen जीएसटी सुधारणा वरवी नवीन कर दर सोमवार सावन लागू करतले.इलेक्ट्रिक ACCUMULATERSवेलो कर दर २८ टक्क्यां वेलान १८ टक्के केला, ज्याकालागुन डिजिटल उपकरणां आणि लहान उपकरणां खातीर बॅकअप पॉवरची उपलब्धता वाढल्या

-------------------------------------------

Yuva puraskkar dip

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान 2023-24 आनी 2024-25 वर्सां खातीर राज्य युवा पुरस्कार खातीर युवा विकासाच्या क्षेत्रांत काम करपी सक्रिय आनी गतिशील व्यक्ती आनी स्वयंसेवी संघटना, म्हाविद्यालय, युवा क्लब आनी निम सरकारी संघटनां कडल्यान अर्ज मागयल्यात.वैयक्तिक पुरस्काराखातीर १५ ते २९ वयोगटातले युवक अर्ज करपाक पात्र आसात . अर्ज नमुना, पात्रतेचे नियम वा अटी आणि हेर माहिती खेळ आणि युवा व्यवहार संचालनालय www.dsya.goa.gov.in या वेबसाइटीर उपलब्ध आसा.

-------------------------------------------

Prasad – blood donation

बोरीच्या स्वामी विवेकानंद विद्याप्रसाक मंडळाच्या वाणिज्य महाविद्यालयांतल्या राष्ट्रीय सेवा येवजणेच्या युनिटान गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाच्या (जीएमसी)

रगत बँके वांगडा रगतदान शिबिर आयोजीत केल्ले.ह्या शिबिराचें उक्तावण म्हाविद्यालयाचे प्राचार्य प्रा.अच्युत पेडणेकार हांणी केलें. ह्या वेळार जीएमसीचे डॉ.पास्कल डिसोझा आनी डॉ.प्रचित नायक हाजीर आशिल्ले.

-------------------------------------------

DESK

आकाशवाणी पणजी केंद्र हंगामी खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता.पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे समपर्क साध्चो. अर्ज धाडपाची निमणी तारीख २० ऑक्टोबर आसा

-------------------------------------------

स्पोर्ट्स

गोयची उदेति बेडमिनटनपटू डिम्पल रेवणकर हाणे पंचकुलात सुरु अशील्ल्या अखिल भारतीय सब जुनियर मानाकन बेडमीनटन सर्तीत 15 वर्सा सकयल्या चलीयांच्या एकोडी सरतीत मुखेल फेरी गाठली

-------------------------------------------

IMD

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान **31**डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान तापमान **25** डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.

-------------------------------------------